PANAJI 5th November 2026 regional news 7.25 AM

Rashmi

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी इफ्फी २०२६ च्या तयारीचो नियाळ घेतलो. पणजे गोंय मनरीजवण संस्थेच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका घेवन तांणी इफ्फीच्या तयारेची पळोवणी केली.गोंय चित्रपट अर्थसहाय्य येवजणे/वरवी मंजूर केल्ले पयशे फुडल्या ८ ते १० दिसांनी दीतले, अशी म्हायती तांणी दिली.सिनेमा मळावेल्या जाळ/वण/दारांनी केल्ल्या सूचवण्यांचो विचार करून गोंय चित्रपट अर्थसहाय्य येवजणेची फेर/रचना करतले, अशेंय तानी सांगलें. इफ्फीच्या काळांत गोंयचे दिग्दर्शक आदित्य सुहास जांभळे हांचो सत्कार करतले. तशेंच, इफ्फी २०२६ चो curtain raiser कार्यक्रम १२ नोव्हेंबराक दिल्लींत जातलो, अशी म्हायती मुखेल्मन्त्र्यानी दिली.

Rashmi / गणेश 180

दक्षिण गोंयांतल्या कुडपे आनी सुकोर्णा खनिज ब्लॉकांत बेगीनुच खनिज उत्खनन सुरू जातलें, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. डिसेंबर म्हयन्यांत आनीक 8 ते ९ खनिज लीजांचो लिलाव करतले, अशी म्हायती तांणी दिली. राज्यांतल्या खण/कामाची म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यानी , आतां मेरेन 17 खनिज ब्लॉक लिलाव जाला आनी तातूंतल्या 6 ब्लॉकांत काम सुरू जालां अशे सांगला .दक्षिण गोंयांत खनिज उत्खनन सुरू करपाखातीर सरकार भौशीक सुनावण्यांसयत/ हेर गरजेच्यो परवानग्यो आनी प्रक्रिया बेगीन पुराय करपाचो यत्न करतलें, अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें.खनिज वेवसाय सुरू करपाक लोकांनी सरकाराक सहकार्य करचें, अशें आवाहन /मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलें. खण भाडे/कारांनी गरजेचे कागदपत्र आनी परवाने मेळोवपाची प्रक्रिया बेगीन पुराय करची. हे प्रक्रियेंत गरजे भायर कळाव करपी भाडेंकरूंक अधिसुचोवणी जारी करतले अशीय शिटकावणी मुख्यमंत्र्यानी दिल्या.पर्यावरणाची राखण करून शाश्वत पद्दतीन राज्यांत खणकाम सुरू करतले. खणकामाक लागून राज्याची येणावळ वाडटलीच पूण थळाव्या नागरिकांक

रोजगाराचीय संद मेळटली. खनिजांची येरादारी करपी ट्रक मालकांच्या दरांतय सुदारणा जातली अशें तांणी स्पश्ट केलें.

Jan 80

गोय औद्योगीक उदरगत महामंडळ राज्यांतल्या सगळ्या उद्योगीक वसाहतींची उजो सुरक्षा तपासणी करपाखातीर वावर सूरु करतले अशे GIDC चे अध्यक्ष आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेन्स् हांणी सांगला.उद्योगीक वसाहतींतली उज्या सुरक्षेची वेवस्था आनी आपत्कालीन तयारी अजून घटमूट करपाखातीर महामंडळ पावला उखलता. आपत्कालीन परिस्थिती वेळार बेगोबेग प्रतिसाद दिवपाची तांक वाडोवपाखातीर आनी अशा प्रकारच्या घडणुकांचो धोको उणो करपाखातीर उजो सुरक्षा मॉक ड्रिल आयोजीत करपाचो प्रस्ताव महामंडळान दवरला. "

Rashmi 88

गोंय सरकारान राज्यांतल्या १२ म्हालातल्या २४ प्रशिक्षण संस्थांच्या माध्यमांतल्यान १२ हजारांपरस चड तरणाट्यांक कौशल्य प्रशिक्षण दिवपाचें उद्दिष्ट दवरलां अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी लोकभवनांत आयोजीत युवक कौशल्य विकास संमेलनांत उलयताना दीली.पर्यटन, आ/ति/थ्य सेवा, बँकिंग, ल्हान वेवसाय आनी लॉजिस्टिक्स अशा वेगवेगळ्या मळावेले प्रशिक्षण ह्या उपक्रमावरवी दीतले . राज्यांतल्या तरणाट्यांक रोजगाराखातीर सक्षम करून तांकां स्वावलंबी करप हो ह्या उपक्रमाचो मुख्य हेतू आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

Crackers 64

दिवाळेच्या आदीं कुशवती जिल्ह्याच्या जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयान भौशीक सल्लो जारी करून फुगेट्यांचो व्यवहार करपी सगल्या दुकानदारांक आनी विक्रेत्यांनी जतनाय घेवपाचो आदेश दिला .विक्रेत्यांनी कार्यक्षम उजो पालोवपी उपकरण उपलब्ध आसात हाची खात्री करची पडटली, परिसरा लागसार धूम्रपान करपाक बंदी घालची पडटली आनी आणीबाणीच्या वेळार भायर सरपाची सुवात दवरची पडटली.

Sports30

रणजी ट्रॉफी क्रिकेट सर्तीत एलायट ग्रूप 'अ' गटात गोंय आनी बिहार पंगडामदी पणजे जिमखाना मैदानात जाल्ल्या खेळात  तिसऱ्या दिसा गोंयान बिहार पंगडाक एक डाव आनी एकशे सत्त्यात्तर  धावंड्यानी हारयले. गोंय पंगडान पयल्या डावात TINSHE SATTYANV धावंड्यो केल्ल्यो.

Imd

पणजी वेधशाळेच्या  प्रमाण आज राज्यांत चडात चढ तापमान  ---३०.5-- अंश celcius नोंद जाला आणि उण्यात उणे ----२५-  अंश celcius नोंद जाला.

---